6 NOVEMBER 2025 NATIONAL NEWS 6.30 PM

## Modi

शेनवारा नवी दिल्लींत कायदेशीर मजत वितरण यंत्रणा घटमूट करपावेल्या राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी करतले.एका निवेदना प्रमाण राष्ट्रीय कायदेशीर सेवा प्राधिकरणान तयार केल्ल्या सामुदायिक मध्यस्थी प्रशिक्षण मॉड्यूलाचें उक्तावण प्रधानमंत्री करतले आनी थंयच्या मेळाव्यांत उलयतले. दोन दिसांच्या परिशदेंत कायदेशीर मजत संरक्षण सल्लागार प्रणाली, पॅनल वकील, पॅरालीगल स्वयंसेवक, कायमस्वरूपी लोक अदालती आनी कायदेशीर सेवा संस्थांचें अर्थीक वेवस्थापन अशा कायदेशीर सेवा चौकटीच्या मुखेल तासाचेर चर्चा करतले.

## President

आयसीसी बायलां क्रिकेट विश्वचषक 2025 विजेत भारतीय बायलां क्रिकेट पंगडान आयज नवी दिल्लीच्या राष्ट्रपती भवनांत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांची भेट घेतली. सोशल मिडिया पोस्टांत राष्ट्रपती मुर्मू हांणी ह्या पंगडाक परबीं दिवन तांणी इतिहास घडयला आनी तरणाट्या पिळगे खातीर ती आदर्श जाल्यात अशें सांगलें. हो पंगड वेगवेगळया प्रदेशांचें, समाजीक पार्श्वभूमीचे, आनी परिस्थितीचें प्रतिनिधित्व करता आनी भारताक एक "team" म्हणून प्रतिबिंबीत करता अशें त्यानी म्हणले

## Bihar

बिहार विधानसभा वेचणुकीच्या पयल्या टप्प्या खातीर मतदान सुरू जाले. खुपशा मुखेल फुडाऱ्यांनी मतदान केले या टप्प्यात १८ जिल्ह्यांमधल्या १२१ मतदारसंघां खातीर मतदान जाले. या जिल्ह्यांमदी पाटणा, वैशाली, नालंदा, भोजपूर, मुंगेर, सारण, सिवान, बेगुसराय, लखीसराय, गोपाळगंज, मुझफ्फरपूर, दरभंगा, मधेपुरा आणि सहरसा आसपावतात. मतदान सकाळी ७ क सुरू झाले आणि सांजे ६ मेरेन चलले. सुरक्षेच्या कारणा वेल्यान, सिमरी बख्तियारपूर, महिषी, तारापूर, मुंगेर, जमालपूर आणि सूर्यगढ विधानसभा मतदारसंघातील ५६ मतदान केंद्रांर मतदान सांजे पाचाक सोपले

बिहारात दुसऱ्या टप्प्यातलो वेचणुक प्रचार नेटान सुरू आसा एनडीए आणि महाआघाडीबंधन आणि हेर राजकीय पक्षांचे स्टार प्रचारक आणि वरिष्ठ पुडारी आज मतदान

जावपी मतदारसंघांमदी  वेचणूक सभांनी उलोवप करतात.  भाजपचे ज्येष्ठ फुडारी आणि प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदीनी जाल्या जाहीर सभेत म्हणले

## Mandviya

पाकीस्तानान भारताच्या कायदेशीर प्रकल्पांक आडमेळी हाडपाक सिंधु उदक कबलात यंत्रणेचो परतपरत गैरवापर केला अशे कामगार आणि रोजगार मंत्री डॉ. मनसुख माडवीय हाणी म्हणले. पाकिस्तानच्या राष्ट्रपतींनी त्यांच्या वक्तव्यात भारताबद्दल केल्या काय अन्याय कारक संदर्भांचेर तांणी तीव्र आक्षेप घेतलो. त्यांनी भारताविरुद्ध चुकीची माहिती पसरयल्याआनी पाकिस्तानाक देशाच्या अंतर्गत बाबींवर भाष्य करण्याचा कसलोच अधिकार ना विशेषतः जेन्ना ते भारतीय नागरिकां आड सीमापार दहशतवादाच्या कृत्यांनी सहभागी आसात तेन्ना अशे मोडवीय उलयले

## CHES

गोंयात 30 ऑक्टोबर ते 27 नोव्हेंबर मेरेन फिडे विश्वचषक 2025 सरत सुरु आसा जातुत संवसारांतले नामनेचे खेळगडे वाटेकार जालयात. हो खेळ पळोवपाक सगळ्या खातीर उक्तो आसा. तिकटा विशीची माहिती WORLDCUP2025.FIDE.COM चेर आसा. खेळा मोग्यांनी हाचो मुजरत लाव घेवचो.

## Imd

भारतीय  हवामान खात्यान आयज तमिळनाडू पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा  कांय सुवातानी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो आनी गडगड मारपाचो अदमास दीला. कर्नाटक आनी रायलसीमाच्या कांय वाठारांनीय दिसां गडगड आनी वीज पडपाची शक्यताय आसा. आयतारा मेरेन ह्या वाठारांनी हवामानाची स्थिती तशीच आसपाची शक्यताय आसा.

## Sports

मनु भाकर आणि स्वप्निल कुसळे हे ISSF वर्ल्ड चॅम्पियनशिप २०२५ खातीर  भारताच्या ४० सदस्यीय संघाचे मुखेली आसतले. शूटिंगात, पॅरिस २०२४ पदक जैतीवंत मनु भाकर आणि स्वप्निल कुसळे आजसावन इजिप्तातल्या कैरोत सुरू जावपी ISSF वर्ल्ड चॅम्पियनशिप रायफल

आनी पिस्तूल २०२५ सर्तीत भारताच्या ४० सदस्यीय पगडाचे फुडारपण करता. तिच्य वांगडा ईशा सिंग आणि सुरुची सिंग आसात.रायफल स्पर्धांमदी, २०२२ चो वर्ल्ड चॅम्पियन रुद्रांक्ष पाटील १० मीटर एअर रायफल सर्तीत हारला तर स्वप्निल कुसळे ५० मीटर रायफल थ्री पोझिशनात स्पर्धा करता.